# Panaji regional 05.03.2025 at 7.20pm

नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी राजश्री कामत तुमका प्रादेशिक खबरो दिता

हयो आसात काय मुखेल खबरो

आनी आता खबरो सोपवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आमचे मुखवेल्यो प्रादेशिक खबरो तुमका आयकूक मेळतल्यो फाल्या सकाळी सात वरा **25** मिनिटांचेर नमस्कार

रश्मि 110

बायलांक उद्देग मळार सक्षम करपाक गोय उद्देगीक वसणुकूनी बांयल वेवसायीकांखातीर 30 IDC plots राखीव दवरल्यात. गोंयच्या बांयलांक उद्देगीक मळार परजळीत फुडार आसा.वेगवेगळे वेवसाय करपाक तांणी मुखार सरचे ,गोंय सरकार लेगीत अशा बांयलांक वेगवगळयो येवजण्यो राबयता अशे उद्देग मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी म्हणला. नाबार्ड,तशेंच ल्हान आनी मध्यम उद्देगीक संघटनांनी खास करून गावगिऱ्या वाठारातल्या उद्योजक बायलांक तांच्या येवजणेचो लाव मेळोवन दीवचो अशे आवाहन मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी केला. एसोसिएटेड चैंबर्स ऑफ़ कॉमर्स ऐंड इंडस्ट्री ऑफ़ इंडिया असोचेम गोंय फाट्यान आयज पणजे मिरामार फोर्च्युन हाटेलात राश्टीय ल्हान आनी मध्यम उद्देक करपाक बायलांक आशील्ली संद ह्या वीशयाचेर खासा कार्यावळीत मंत्री मावीन गुदीन्हो मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.ह्या कार्यावळीत गोयच्या शार आनी गावगिऱ्या वाठारातली बांयला उद्देजकांनी वाटो घेतील्लो.

सुशांत 140

ज्ञानपीठ पुरस्कार फावो जाल्ले साहित्यीक पद्मभूषण रवींद्र केळेकार हांच्या जल्म शताद्बी निमतान रवीन्द्र भवन मडगाव हांणी घडोवन हाडिल्ल्या कोंकणी निबंद सर्तीत शुभा बरड वेलिंगकार हांच्या "डिजिटल युगांत कोंकणी" ह्या निबंदाक पयले इनाम फावो जाला. 15 ते 35 वर्सां पिरायेच्या गोंयच्या तरणाट्या लेखकां खातीर ही सर्त उक्ती आशिल्ली. दुसरे इनाम सुजाता सुरेश कांबळी हांच्या "भारतीय भासो आनी कोंकणी" तर तिसरे इनाम देविता ईश्वर खुळे हांच्या "डिजिटल युगांत कोंकणी" ह्या निबंदाक फावो जाला. फाल्यां बिरेस्तारा 6 मार्चाक सांजवेळा 4.30 वरांचेर रवींद्र भवनाच्या परिशद घरात जावपी जल्मशताद्बी कार्यावळींत हे सर्तींतल्या जैतिवंतांक पुरस्कार दितले. ह्या वेळार तीन तरणाट्या युवा साहित्यीकांचो रवीन्द्र केळेकार सर्जक पुरस्कार दिवन भौमान करतले. ह्यावेळार दिलीप बोरकार हांणी रविंद्र केळेकार हांचेर तयार केल्लो ‘जीवन योगी’ हो लघुपट दाखयतले. ह्यावेळार ज्येष्ठ साहित्यीक किरण बुडकुले हांचे केळेकार हांच्या जिविताचेर खाशेले उलोवप जातले. ह्यावेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, फातोड्डेचे आमदार विजय सरदेसाय आनी ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतिवंत म्हालगडे दामोदर मावजो हाजीर आसतले.

रश्मि 140

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज दाबोळे INS Hansa ह्या नौदळाच्या तळाक भेट दीली. ह्यावेळार सुरक्षिततायेच्या नदरेतल्यान नौदळाच्या तळाचे कामकाज तांणी समजुन घेतले .तांच्या सयत राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, मंत्री रोहन खंवटे, सुभाश शिरोडकार, भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक,आमदार गणेश गांवकार,आलेक्स रेजीनाल्ड लोरेंन्स,चंद्रकांत शेट्ये,तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. आयएनएस हंसाक भेट दिवप हो एक बरो अणभव आशील्लो,ins hansa ह्या नौदळच्या तळाचे काम कशे चलता हाचो नियाळ ह्या भेटे दरम्यान लागी सावन घेवपाक मेळ्ळो. ही भोंवडी घडोवन हाडपा खातीर रियर एडमिरल अजय डॅनियल थियोफिलस, फ्लॅग ऑफिसर कमांडिंग गोवा नेव्हल एरिया आनी फ्लॅग ऑफिसर नेव्हल एव्हिएशन हांचे हांव मनापासून उपकार मानतां अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी

म्हणले.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आमच्या संरक्षण दळां आनी नागरीक हांचे मदलें नातें घटमूट करपाचें म्हत्व सातत्यान भर दिला. तो संबंद वाडोवपा खातीर ही संद मेळोवन दिल्ल्या खातीर आय.एन.एस हंसाची हांव तोखणाय करतां, तशेच धाडसी सैनिकांकांच्या कामाची तुस्त मुखेलमंत्र्यान केली

रश्मि 80

पणजे कला आनी संस्कृती संचालनालयात कल्पक ह्या विज्ञान प्रदर्शनाचे आयोजन केला.ह्या प्रदर्शनात पदवी तशेंच पदव्युत्तर विद्यार्थ्यांनी केल्ले विज्ञान वीशयक 20 प्रकल्प दवरल्यात अशी म्हायती कल्पक प्रदर्शनाचे संयोजक महेश माजीक हांणी दीली. 5 -7 मार्च ह्या काळात हे प्रदर्शन आयोजीत केला.जाल्यार सात मार्चाक प्रदर्शनाचो समारोप जितलो.ह्यावेळार बऱ्या science project इनामा दीतले, तशेच जैतीवंत प्रकल्पक राट्रीय पांवड्यार जावपी विज्ञान प्रदर्शनात वाटो घेवपाक मेळटलो.विद्यार्थ्याक विज्ञानाची आवड,ह्या आवडीतल्यान नवे संशोधन करून प्रकल्प तयार करपाक उर्बा दीवपाच्या हेतान हो उपक्रम राबयला अशे माजीक हांणी सांगले.

DIP 50

दक्षीण गोंयच्या साश्ट म्हालातल्या सांव जुजे द आरियल पंचायतीचो वार्ड-2 खातीर 9 मार्च 2025 दिसा पोटवेंचणूक जावपाची आसून सरकारान पोटवेंचणूक जावपी वार्डांतले मतदार आशिल्ले उद्देगीक कामगांर, सरकारी खातीं आनी उद्देगांनी दिसवड्याचेर काम करपी, खाजगी वेपारी आस्थापनांनी काम करपी आनी हेर खाजगी आस्थापनांनी काम करपी सगळ्यां कामगारांखातीर आयतार ता. 9 मार्च 2025 दिसा भरपगारी सुटी जाहीर केल्या.

डेस्क 110

साहित्यीक आनी आकाशवाणी पणजीचे आदले वृत्त निवेदक मुकेश थळी हांच्या रंगतरंग ह्या निबंद झेल्याक २०२४ वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार फावो जाला. पुरस्कार स्विकारपाक थळी 7 मार्चाक दिल्लीक वतले. 8 मार्चाक खासा सुवाळ्यांत हो पुरस्कार तांकां प्रदान करतले. मुखेल सोयरे म्हूण इंग्लीश नाटककार महेश दत्तानी हाजीर आसतले. साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष माधव कौशिक हांचेंय हे वेळार उलोवप जातलें. साहित्योत्सव हे भरगच्च कार्यावळींत थळी इंग्लीशींतल्यान उलोवप करतले आनी मीट द प्रेस हे कार्यावळींतूय उलोवप करतले. साहित्योत्सव हे कार्यावळींत व्याख्यानां, कवी संमेलनां, वार्तालाप अश्यो भरगच्च कार्यावळी आँखल्यात आनी तातूंत देश विदेशांतले साहित्यिक वांटो घेतले. हे फाटभुंयेर आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान मुकेश थळी हांची रघुनाथ साकोर्डेकार हाणी घेतीली मुलाखत दोन भागांनी ६ आनी ७ मार्चाक म्हळ्यार फाल्यां आनी परां सकाळीं ७.३० ते ८.०० मजगतीं वितरायतले.

तापमान 50

पणजेच्या वेधशाळेन नोंद केले प्रमद आज सर्वाधिक तापमान पणजेत 34.2 डिग्री सेलसीयस आनी किमान तापमान मुरगावत 23.8 डिग्री सेलसीयस आशीलले. हवेतली आद्रता 76 टक्के आसा. उत्तर आनी दक्षिण गोंयचे हवामान सुकें आसपाची शक्यताय आसा आनी चडांत चड तापमान 35-37 अंश सेल्सियस मदीं वाडपांची खूब शक्यताय आसा. सकाळीं उथळ ते मध्यम धुकें आसू येता

गणेश/ DIP 160

गोंयांत सध्या गरमेचे दिस सुरू जाल्ले आसून लोकांनी, खास करून जाण्टे आनी भुरग्यांनी गरमेच्या उबाळा पसून त्रास जावचे न्हय म्हूण जतनाय घेवपाची गरज आसा. उश्णतायेच्या खरसाणेक लागून हिट स्ट्रोक येवप तशेंच हेर त्रास जावपाची शक्यता आसता. वाडत्या गरमिक लागून सरकाराच्या भलायकी खात्यान काय मार्गदर्शक सल्लो जाहीर केला. उश्णतायेक लागून जावपी दुयेंसां आडावपा

खातीर कितें करचें • उदक, लिंबूयुक्त पेयां, नाल्लाचें उदक, ताक, ओआरएस आनी पाणचट फळां आनी भाजीपालो जशीं टरबूज, खरबूज, संत्रां, काकडी आदी सेवन करून हायड्रेटेड रावचें.• भायर वतना तकली धापपाक टोपी सतरी वापरची , सनस्क्रीन, आनी  हलक्या रंगाचे, सैल सुती कपडे वापरात. प्रसार माध्यमांचेर आनी तांच्या संकेतथळार आयएमडीची शिटकावणी तपासात. जाण्टे/दुयेंत/गुरवार आनी स्तनपान दिवपी  आवय/भुरगीं/एकटें भायर सरपी लोक/दिव्याग व्यक्तिक निर्जली करणाचीं खंयचींय लक्षणां दिसल्यार ते तपासात. ते गोंदळलेले , दिश्टीहीन जालया  वा घाम येवप बंद जाला काय ना तें पळोवचें आनी लागींच्या भलायकी सुविधांत व्हरचें. शक्य जाल्यार थंड सुवातेर व्हरून मनशाक रोखडोच थंड करचो. कितें करचें न्हय • दनपारां 12 ते 3 वरां मजगतीं, खास करून उश्णतायेची शिटकावणी दिल्ल्या दिसांनी भायर सरप टाळचें • च्या/कॉफी/सोरो/शीतल पेयां टाळचें • तेलकट, प्रथिनांचें प्रमाण आशिल्लें अन्न टाळचें • भुरगीं, पाळीव प्राणी आदी भायर सोडप टाळचें. बंद उबी केल्ल्या गाडयेंत कारण तापमान खूब वाडूंक शकता • दनपारां आनी चड तापमानांत रांदप टाळचें - थंड वेळार पुराय रांदप करचें..

राजश्री/सुभाष    130

पर्यावरण खात्यान भौशीक सुवातेर मध्यान रात मेरेन संगीत वाजोवंक मेळपा खातीर वळेरी जाहीर केल्या. न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण, राज्यांतल्या भौशीक सुवातींनी फकत रातच्या धा मेरेन संगीत वाजोवंक मेळटा. पूण वर्साक 15 दीस सरकार तातूंतल्यान सुट दिवंक शकता. पर्यावरण खातें दर वर्सा मार्च म्हयन्यांत हे संबंदी ही वळेरी जाहीर करता. ते प्रमाण पर्यावरण खात्यान 2025-26 वर्सा खातीर 15 दीस थारायल्यात, तातूंत इफफीच्या काळांतले  दोन दीस आसपावतात. देखून नाताळा सावन नव्या वर्सा मेरेन दोन दीस उणे केल्यात. मजगतीं, पर्यावरण खात्यान थारायिल्ल्या 15 दिसांत मध्यान रात मेरेन संगीत वाजोवपाची पंचायत, नगरपालिका, नगरपालिका  कडल्यान परवानगी घेवप, आनी आवाज प्रदुशण नेम, 2000 पाळप सक्तीचें आसा. राज्य पर्यावरण खात्यान जाहीर केल्ल्या ह्या वळेरेंत चवथ , अनंत चतुर्दस, कार्निव्हल , इस्टर , नवरात्री , दिवाळी , नातलां

ह्या सणां-परबांचो आनी इफ्फी कार्यावळींचो आसपाव आसा. ह्या वर्सा खातीरच्या कार्यावळींच्यो तारखो लेगीत पर्यावरण खात्यान जाहीर केल्यात.

NSD बाघेल 80

सरकारी येवजण्यांची प्रत्यक्ष अंमलबजावणी करपाक ग्रामपंचायत प्रतिनिधी म्हत्वाचो खांबो आसा अशें पंचायती राज राज्यमंत्री प्रा.. एस. पी. सिंह बाघेल हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या राष्ट्रीय अधिवेशनांत पंचायती राज मंत्रालयाच्या आदर्श बायलांक अनुकूल ग्राम पंचायत उपक्रमाची सुरवात करतना तांणी पंचायतींच्या कार्यपद्दतीचेर भर दिलो आनी सगल्या पंचायत प्रतिनिधींनी आपल्या वावरांत सगले नेम पाळचे अशें आवाहन केलें. गोंयांतली जिल्लो पंचायत वांगडी अनिता थोरा हिणें आकाशवणीकडे उलयतना पंचायतींक आदार दिवपा खातीर सरकारान केल्ल्या उपक्रमांची तोखणाय केली. आयचे कार्यशाळेंतल्यान सगल्या पंचायती वांगड्यांक मार्गदर्शन मेळटलें अशें तिणें सांगलें.

राजश्री 130

गोंय वैजकी म्हाविद्याल्य (गोमेकॉ), दत म्हाविद्यालय आनी भलायकी खातें हांच्या जोड पालवान कासावलें आयोजीत केल्ल्या फुकट कॅन्सर स्क्रिनींग अभियानांत एका बायलेक थानाचो कॅन्सर जाल्याचें सापडले. . जाल्यार दोगांक तोंडाच्या कॅन्सराचीं लक्षणां दिसून आयली अशें डॉ. जगदीश काकोडकार हांणी सांगलें. तांचेर रोखडोच उपचार सुरू जाल्यान आतां मेरेन 14 अभियानांत वट्ट 68 जाणांचो जीव वाटावपाक मुखेली तशेंच अभियानाचे नोडल अधिकारी डॉ. जगदीश काकोडकार हांच्या फुडारपणा खाला पंगडान कॅन्सर स्क्रिनींग अभियाना खाला फाटलें कांय म्हायन्यां सावन मंडूर, वाळपय, कुडचड्यां, सांखळे, पोरणें गोंय, काणकोण, सांगें, दिवचल, पेडण्यां, शिरोड्यां आदीं वाठारांत वचून मोबायल कॅन्सर डिटेक्शन व्हॅनच्या माध्यमांतल्यान थळाव्यांची फुकट तपासणी केली.

फुकट कॅन्सर स्क्रिनींग अभियानांत राज्यभरांतल्यान उत्स्फूर्त प्रतिसाद मेळटा. राज्यांतल्या सत्ताधारी आनी विरोधी आमदारां कडल्यान स्वताच्या मतदार संघांत

शिबीर आयोजीत करपाची मागणी जाता. फुडलें शिबीर ह्याच म्हयन्यांत कोलवाळे जातले अशीं म्हायती डॉ. जगदीश काकोडकार हांणी दिल्या.

1 गोंयच्या बांयलांक उद्देगीक मळार परजळीत फुडार आसा.वेगवेगळे वेवसाय करपाक तांणी मुखार सरचे ,गोंय सरकारबांयलांक वेगवगळ्यो येवजण्यो राबयता अशे उद्देग मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी म्हणला.

2 मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज दाबोळे INS Hansa ह्या नौदळाच्या तळाक भेट दीली.

3 साहित्यीक आनी आकाशवाणी पणजीचे आदले वृत्त निवेदक मुकेश थळी हांच्या रंगतरंग ह्या निबंद झेल्याक २०२४ वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार फावो जाला.

4 वाडत्या गरमिक लागून सरकाराच्या भलायकी खात्यान काय मार्गदर्शक सल्लो जाहीर केला.